- शिकपी, शिक्षक, पालक, समाजांतल्यो व्यक्ती हांकां आसपावन घेवन नियोजन भागीदारीचें करूं येता.
- भाशा उत्सव घडोवन हाडपा खातीर टिकावू सैमीक संपत्तीचो उपेग करपाचे यत्न करूंक जाय.
- शाळांनी नितळसाण, कोयर विलो पद्दत, साधनसुविधा वापर हांचे खातीर शाळांनी तजवीज करूंक जाय.
- कार्यावळी सुलभतायेन जावच्यो म्हूण भाशा उत्सवाच्यो सुचोवण्यो भारतीय भाशांनी आसूंक फाव.
- शाळेंत भारतीय भासांचो प्रसाराच्यो कार्यावळीं करपा खातीर अनुकूल वातावरण आसपाक जाय.
- भारतीय भासां विशीं जागृताय आनी संवकळ निर्माण करपाचो वावर कार्यावळींची निवड, सादरीकरण आनी खबरो/विचार प्रसारांत सृजनशील आसूंक जाय.
- भाशा उत्सवाच्या उद्दिश्टांक घटाय दिवपाचे नदरेन फुडारा खातीर शक्य येवजण्यो घडोवंक शाळांनी फुडाकार घेवं येता.
- भाशा उत्सवा खातीरचें एक खबरांपत्र आसूं येता जाचो आय.सी.टी.चो वापर करून प्रसार करूं येता.
- भाशा उत्सवा खातीर कार्यावळींचें नियोजन करतना थळावी साधनां, भासांचो आसपाव करूं येता.
- आशय सादरीकरणा खातीर पालव म्हूण तंत्रगिन्यानाचो वापर करपाची शिफारस केल्या.
- वयल्या सुचोवण्यां प्रमाण शाळांनी आपलीं मार्गदर्शक तत्वां तयार करूं येतात.

अतिरिक्त साधनां आनी दुवे

**येयात...एकठांय गावया...**

▯ ▯ ▯

## भारताचो सोद घेवया

## भारतीय भाशेंत संवाद

तुमी भेट दितले त्या राज्यांतल्या लोकां कडेन जावपी तुमचे भासाभाशेंत सकयल दिल्लीं वाक्यां आसूं येतात. त्या त्या राज्याचे भाशेची वळख आसप मुळाव्या दीसपट्ट्या गरजां खातीर आनी राज्य आनी ताचें गिरेस्त इतिहासीक दायज जाणून घेवपाक महत्वाची आसता, हें तुमकां खबर आसा. तुमची भासाभास रंजक आनी संबद्ध करपा खातीर विशय आनी वाक्यांचो क्रम तुमच्यांनी बदलूं येता.

तशेंच राज्या विशीं जाणून घेवपा खातीर आनी प्रवासाचें वेळापत्रक निश्चीत करपा खातीर तुमी विश्वासार्ह संकेतथळांक भेट दिवची अशी सुचणीय आमी दितात.

**भास**

1. तुमच्या प्रदेशाची मुखेल भास खंयची?
2. तुमच्या राज्यांत खंयच्यो भासो उलयतात?
3. तुमच्या राज्याची राजभास खंयची?
4. तुमच्या राज्याचे भाशेची लिपी खंयची?
5. तुमच्या राज्य भाशेच्या वर्णमाळेंतल्या अक्षरांची संख्या कितली आसा?

**राज्य**

6. तुमच्या राज्याच्या शिमे वयल्या वाठारांनी खंयचीं राज्यां आसात?
7. तुमचें राज्य खंयच्या वर्सा स्थापन जालें?
8. तुमच्या राज्यांतले विधानसभेंत कितले जागे आसात?
9. तुमच्या राज्याचो मुख्यमंत्री आनी राज्यपाल कोण?
10. तुमच्या राज्याचें उच्च न्यायालय खंय आसा?
11. तुमच्या राज्यांत कितले जिल्ले आसात?
12. तुमच्या राज्याचो शिक्षण मंत्री कोण?

**दर्शनीय थळां**

13. बरें तर, तुमच्या वाठारांतल्या दर्शनीय थळां विशीं सांगात.
14. खंयचो मुखेल राष्ट्रीय म्हामार्ग ह्या वाठाराक जोडटा तें सांगशात?
15. एकाच दिसांत सगळीं दर्शनीय थळां पळोवन जातलीं?

**शिक्षणीक संस्था**

16. शार/ नगरांतल्या शिक्षणीक संस्थां विशीं म्हाका माहिती मेळत?
17. एके सुस्थापीत आनी नामांकीत शिक्षणीक संस्थे विशीं सांगशात?
18. उच्च शिक्षण दिवपी खंयच्यो संस्था आसात?
19. तशेंच तंत्रीक शिक्षण दिवपी संस्थां विशीं मातशें सांगशात?
20. प्राथमीक शाळेक भेट दिवपाची म्हजी इत्सा आसा. खंयचे आनी कशें वचचें तें सांगशात?

**बाजार**

21. तुमच्या वाठारांतली सगळ्यांत पोन्नी बाजारपेठ खंयची आनी खंय आसा?
22. त्या बाजारांत सहजतायेन कशें पावूं येत, उपकार करून म्हायती दियात.
23. तुमच्या वाठारांतल्या सगळ्यांत पोन्ने बाजारपेठेचें मुखेल आकर्शण कितें?

**उत्सव**

24. ह्या वाठारांतल्या उत्सवा विशींय कितें तरी सांगात.
25. एखादरो उत्सव मनयतले?

26. तुमच्या राज्यांतले मुखेल उत्सव खंयचे?
27. तुमच्या राज्यांत खंयचे मुखेल उत्सव मनयतात?
28. तुमच्या राज्यांत खंयच्यो मुखेल जात्रा जातात?

**जेवणखाण**

29. थळाव्या पदार्थांची चव घेवपाक जाय. उपकार करून कांय रेस्टॉरंटां सांगात, जंय म्हाका बऱ्या जेवणाचो आस्वाद घेवंक मेळटलो.
30. तुमच्या शारांत खाणां-जेवणाचे खंयचे खाशेले पदार्थ फामाद आसात? हांगाच्या जेवणाचें खाशेलपण कितें?
31. तुमच्या शारांत गोड वा खार जेवणाचे / खाणाचे खंयचे पदार्थ रांदतात?
32. तुमच्या शारांत जेवण आनी नाश्ट्यां खातीर कसल्योय खाशेल्यो पाककृती आसात व्हय?
33. उत्सवाच्या वेळार खाणाजेवणाचे कसलेय खाशेले पदार्थ करतात व्हय?
34. फकत तुमच्या शारांत जातात अशे खाशेले पदार्थ आसात व्हय?
35. तुमच्या राज्याचें आनी प्रदेशाचें परंपारीक जेवण कितें?
36. उत्सवांनी खंयचें खाशेलें जेवण तयार करतात?
37. घरांत खंयचीं खाशेलीं गोडशीं तयार करतात?
38. घरांनी सामान्यपणान दिसपट्टें कितें शिजता?

**सैमीक संपत्ती**

39. तुमच्या वाठारांतल्या उदकाचे सैमीक स्रोत देखीक न्हंयो, पाट, तळीं आदी सांगात.

**दोंगराळ प्रदेश**

40. हांगा खंयचोय दोंगराळ वाठार आसा? ह्या वाठारांतल्या दोंगरावळीक कितें म्हणटा?
41. पळोवप/जाणून घेवप खूब म्हत्वाचें अश्या तुमच्या वाठारांतल्या खंयच्याय खाशेल्या जाग्या विशींय सांगात.

**हवामान**

42. हांगाचें हवामान चड करून कशें आसता?
43. तुमच्या शाराक भेट दिवूंक खंयचो रुतू बरो?

**पीक**

44. हांगाचें मुखेल पीक कितें?
45. ह्या दिसांनी शेतांत खंयचें पीक पिकयतात?

**गीत, संगीत, नाच, कला, संस्कृती, कला प्रकार**

46. तुमच्या शारांत खंयच्यो हस्तकला फामाद आसात?

47 तुमच्या शारांत खंयच्यो लोककला फामाद आसात?

48 तुमच्या शारांतली नामनेच्यो हस्तकला वस्तू म्हाका विकत घेवपाच्यो आसात. तुमी म्हाका योग्य सुवात सांगशात?

49 तुमच्या शाराचो लोकनाच म्हज्या दोळ्यांनी पळोवपाची म्हाका खूब आदीं सावन इत्सा आसा. तो खंय पळोवंक मेळत?

50 म्हाका तुमच्या शाराच्या लोकगीत कार्यावळींत वांटो घेवपाचो आसा. ती खंय जाता?

51 तुमच्या शारांत खंयचो लोकनाच प्रचलीत आसा?

52 तुका खंयचो नाच करपाक आवडटा?

53 तूं नाच कोणा कडल्यान/खंय/केन्ना शिकलो?

54 तुमच्या शारांत खंयचे नाच लोकप्रिय आसात?

55 म्हाका नाच शिकपाक जाय जाल्यार तुमच्या शारांत खंय शिकूं येता?

56 तुमच्या शारांत फामाद नृत्य कलाकार कोण?

57 तुमच्या शारांत खंयचीं वाद्यां वाजयतात आनी तयार करतात?

58 तुमच्या शारांत वाद्य वाजोवपाक खंय शिकयतात?

59 तुमच्या शारांत उत्सव, लग्न आदी प्रसंगांचेर घरांनी खंयचीं गितां गायतात?

60 तुमच्या शारांत खेळटना भुरगीं खंयचीं खेळां गितां गायतात?

61 तुमच्या शारांत लोक परंपरेन खंयचीं चित्रां काडटात?

62 तुमच्या शारांत परंपरीक कलांचें संग्रहालय आसा? थंय कशें वचप?

63 तुमच्या शारांत खंयचीय जात्रा / कालो बी जाता? खंय? केन्ना?

64 जात्रे सुवातेर म्हज्यान कशें वचूं येता?

65 तुमच्या शाराचे जात्रेचीं खाशेलपणां खंयचीं?

66 तुमच्या शारांतले जात्रेक खंयचे लोक कलाकार येतात?

67 तुमच्या शारांत खंयचे उत्सव मनयतात? ते कशे मनयतात?

68 तुमच्या शारांत लोक मनरिजवणे खातीर कितें करतात? तुमी खंय वतात?/तुमच्या शारांत मनरिजवणेचीं खंयचीं साधनां आसात?

69 तुमच्या शारांत परंपरेन खंयचे खाद्यपदार्थ फामाद आसात? ते कशे तयार करतात तें तुमी जाणात? म्हाका ते पदार्थ जाय जाल्यार खंय वच्चें पडटलें?

70 तुमच्या शारांतलें जेवण म्हाका खूब आवडटा. तें रांदूंक खंय शिकूं येता?

71 तुमच्या शारांत खंयच्यो भासो उलयतात?

72 तुमच्या राज्याची राजभास वा भासो खंयच्यो?

73 तुमच्या शारांत थियेटरां आसात?

74 तुमच्या शारांत खंयचे सुवातेर सिनेमा पळोवपाक वचूं येता? थंय कशें वचप?

75 तुमच्या शारांत नाटकां माचयेर सादर जातात? खंय? केन्ना? थंय कशें वचप?

76 तुमच्या शारांत खंयचीं परंपरीक खेळणीं तयार करतात? तीं खंय विकतीं मेळटात?

77 हांगा लोक खंयचे वेवसाय/काम करतात?

78 तुमच्या शारांतलीं दर्शनीय अशीं थळां खंयचीं? तीं कित्याक फामाद आसात? तांचीं खाशेलपणां खंयचीं?

79 तुमच्या वाठारांत खंयच्यो शिक्षणीक संस्था फामाद आसात?

80 तुमच्या शारांत येरादारीचीं खंयचीं साधनां आसात?

81 तुमच्या शारांतली कायदो आनी सुवेवस्था कशी आसा?

82 तुमच्या शारांत खंयच्यो बाजारपेठो चड फामाद आसात? खंयची बाजारपेठ कित्या खातीर फामाद आसा?

**एकसमानताय**

83 तुमच्या शारांतल्या वेगवेगळ्या वेशभुशे विशीं कितेंय सांगशात?

84 तुमच्या शारांत कसले कपडे घालतात?

85 तुमच्या शारांतल्या वेगवेगळ्या वेशभुशे फाटल्यान आशिल्ल्यो काणयो सांगशात?

86 तुमच्या शाराचे वेशभुशेंत खंयचे तरेचे रंग आनी डिझायन चड प्रमाणांत आसात?

87 तुमच्या शारांतल्या खाशेल्या उत्सवा खातीर खंयचो भेस आसता?

88 तुमच्या राज्याची परंपरीक वेशभुशा कसली? शिंया दिसांनी लोक कसले कपडे घालतात? गिमाच्या दिसांनी कसले कपडे घालतात?

**व्यक्तिमत्वां /झुजांवीर**

89 तुमच्या शारांतल्या थळाव्या सुटके झुजाऱ्या विशीं म्हाका जाणून घेवपाक जाय. तुमच्या शारांतले सुटके झुजारी कोण तें सांगशात? आनी तांचे कडेन संबंदीत काणयो सांगात.

90 तुमच्या शारांतल्या सुटके झुजाऱ्यांच्या विचारां विशीं आनी योगदाना विशीं चड म्हायती मेळोवपा खातीर खंयचे थळावे स्रोत उपेगी पडूं येतात?

91 तुमच्या राज्यांतल्यो भारतीय स्वातंत्र्य संघर्शा कडेन संबंदीत म्हत्वाच्यो सुवाती खंयच्यो?

92 तुमच्या राज्यांतले मुखेल सुटके झुजारी कोण?

93 तुमच्या राज्यांतलीं मुखेल व्यक्तिमत्वां खंयचीं?

94 तुमच्या राज्यांतल्या शौर्य पुरस्कारांनी भोवमानीत व्यक्तिचीं नांवां सांगात.

**खेळ**

95 तुमच्या शारांत खंयचे खेळ खूब लोकप्रिय आसात?

96 तुमच्या शारांतल्या खंयच्याय खेळाक म्हत्वपूर्ण इतिहास आसा?

97 तुमच्या शारांत खंयच्या प्रकारचे खेळ मुखेलपणान खेळटात?

98 तुमच्या शारांत कितलीं खेळां संकुलां आनी स्टेडियमां आसात?

99 तुमच्या शारांत खंयचेय खाशेल्यो खेळां उपक्रम वा सर्ती जातात?

100 तुमच्या शारांतल्या एखादऱ्या खेळगड्यान राष्ट्रीय वा आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार खंयच्याय म्हत्वाच्या सर्तींत वांटो घेतला?

101 तुमच्या शारांतले खेळां क्लब आनी पंगडांचीं नांवां कितें आनी तांचीं मुखेल जैतां खंयचीं?

**धर्मीक सुवाती**

102. तुमच्या शारांतल्या म्हत्वाच्या धर्मीक थळां विशीं सांगूं येता? थंय कशें वचप?

**लोकागितां आनी लोककथा**

103. तुमच्या शारांत खंयचीं लोकागितां आनी लोककथा फामाद आसात?
104. तुमच्या शारांतल्या मुखेल लोकागितांचीं नांवां सांगूंक शकतले?
105. तुमच्या शारांतलीं लोकागितां आनी लोककथांचीं पुस्तकां खंय मेळटात?

**वेवसाय**

106. सादारणपणान हांगाचे लोक पोट भरपा खातीर खंयचे वेवसाय/उद्देगांचेर निंबून आसतात?
107. हांगा कसले कारखाने भरपूर प्रमाणांत आसात?

**पर्यावरण**

108. तुमच्या राज्यांत खंयचे उर्जे संबंदीत साधनांचो वापर जाता?
109. तुमच्या राज्यांत पर्यायी उर्जेचे स्रोत खंयचे?
110. तुमच्या राज्यांत कोयराचो विलो लावपा खातीर खंयच्यो पद्दती वापरतात?
111. तुमच्या राज्यांत कोयर रिसायकल जाता व्हय?
112. पॉलीथीन आनी प्लास्टीक हांचो गरजे भायर वापर बंद करपाक तुमच्या राज्यांत खंयची वेवस्था आसा?